24 May 2025 सकाळी - 8.40

**मुखेल खबरो**

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत, नीती आयोगाचे धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेचे, अध्यक्षपदार आसतले.

- रिझर्व्ह बँकेच्या संचालक मंडळान 2024-25 वित्तीय वर्सा, केंद्र सरकाराक 2 लाख 68 हजार कोटी रुपया परस चड, अतिरिक्त निधी हस्तांतरित करपाक मान्यताय दिल्या.

- केंद्रीय रस्ते आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी काल, गोयात नव्या जुवारी पुलाचेर उबारपी, ऑब्जर्वेटरी टॉवराची बुन्याद घाली.

- भारतान पाकिस्तानाच्या विमानांखातीर, हवाई क्षेत्र प्रतिबंध 23 जून मेरेन वाडयला.

- भारताच्या नीरज चोपडान पोलंडांत, जानुस कुसो-सिन-स्की मेमोरियल भालाफेक सर्तींत, रुप्या पदक जिखले.

Niti Ayog PM - 100

आयज नवी दिल्लींत नीती आयोगाचे धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेचे अध्यक्षपदार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आसतले. अंदूचो विशय 'विकसनशील भारता खातीर विकसीत राज्य @ 2047'. गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेंत 2047 मेरेन विकसीत भारता खातीर विकसीत राज्य ह्या दृश्टीकोनाचेर चर्चा जातली.धाव्या गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेंत राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशांचे मुख्यमंत्री आनी उपराज्यपाल, केंद्रीय मंत्री आनी निती आयोगाचे उपाध्यक्ष, वांगडी आनी सीईओ हाजीर आसतले. धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेंत देशा मुखार आशिल्ल्या उदरगतीच्या आव्हानां विशीं चर्चा करपाक आनी भारताक विकसीत राष्ट्र करपाक राज्यांची भुमिका कितें हाचेर एकमत तयार करपाक एक आगळी माची मेळटली.

उद्देजकतेक चालना दिवपा खातीर, कुशळटाय वाडोवपा खातीर आनी देशभरांत शाश्वत रोजगार संदी निर्माण करपाचे उपाय येवन्याचेरुय हे बसकेंत चर्चा जातली.

RBI - 95

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या संचालक मंडळान 2024-25 वित्तीय वर्सा, केंद्र सरकाराक 2.68 लाख कोटी रुपया परस चड अतिरिक्त निधी हस्तांतरित करपाक मान्यताय दिल्या. मुंबयंत आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ले मंडळ बसकेंत, हो निर्णय घेतला. मंडळान, देशी आनी संवसारीक अर्थीक परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. आरबीआयच्या वर्सुकी अहवालाक आनी वर्साच्या अर्थीक विवरणाक ह्यावेळार मान्यताय दिली. चालू अर्थीक आव्हानां मदीं, अर्थीक स्थिती घटमूट करपाच्या हेतान, आरबीआयन आतामेरेनचे केल्ले, हे सगळ्यात चड लाभांश हस्तांतरण आसा.

Gadkari Goa - 180

आयफेल टॉवरा पासत प्रेरणा घेवन, गोयात नव्या जुवारी पुलाचेर उबारपी ऑब्जर्वेटरी टॉवराच्या बुनियादी फातर बसोवपाच्या कार्यावळीत, केंद्रीय रस्ते आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी बुन्याद घाली. हेवेळार उलयतान ताणी सांगलें, की  झुवारी पुलावेल्या ट्वीन टॉवराचे स्वरूप, आयफेल टॉवराभशेन आसतले आनी तो पाच वर्सांत पुराय जातलो. गोंयांत महामार्ग प्रकल्पां खातीर 33 हजार 000 कोटी रुपयांचे वाटप केला, जे राज्याच्या वर्सुकी अर्थसंकल्पा परस चड आसा, अशें मंत्री गडकरी हांणी म्हणले.

हे कार्यावळीक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक, खासदार सदानंद शेट तानावडे, येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. 270 कोटींच्या ह्या प्रकल्पात  रेस्टॉरंट, आर्ट गॅलरी आनी हेर सुविधा आसतल्यो.

हाचो गोयच्या पर्यटनाक लाव जातलो. 460 कोटींचो दाबोळी विमानतळ रस्तो प्रकल्प, जुलय 2026 मेरेन पुराय जातलो. बहुप्रतिक्षित मुंबय-गोंय म्हामार्ग जूनाच्या निमाणे मेरेन, पुराय जातलो आनी 3-4 म्हयन्यांनी ताचे काम सुरू जातले. फोंडा ते भोमा रस्त्याची निविदा तयार जाल्या, अशें केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें. पेडणे ते काणकोण मेरेन वॉटर टॅक्सी सुरू करपाचो प्रस्ताव आसा, अशें हे वेळार मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

Notam Extend -

भारतान पाकिस्तानाच्या उड्डाणां खातीर NOTAM म्हळ्यार notice to airmen फुडल्या म्हयन्याचे, 23 मेरेन वाडयला. नागरी विमान मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण, पाकिस्तानांत नोंद जाल्ल्या आनी लश्करी विमानां सयत पाकिस्तानी विमान कंपन्यांनी चलयल्ल्या, मालकीच्या आनी भाड्यान घेतिल्ल्या विमानांक, भारतीय हवाई क्षेत्राक मान्यताय ना. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना, नागरी विमान मंत्री राममोहन नायडू किंजारापू हांणी सांगलें, कि नोटम वाडयला आनी भारतान सद्याची स्थिती तिगोवन दवरल्या.

ऑपरेशन सिंदूर मिश्री - 100

ऑपरेशन सिंदूराचेर भारताच्या राजनैतिक संपर्काचो भाग म्हणून परराश्ट्र सचीव विक्रम मिसरी हांणी चार बहुपक्षीय प्रतिनिधी मंडळांच्या वांगड्यांक म्हायती दिली. मिश्री हांणी काँग्रेस फुडारी शशी थरूर, भाजपा फुडारी रविशंकर प्रसाद, राष्ट्रवादी-सपा फुडारी सुप्रिया सुळे आनी भाजपा फुडारी बैजयंत पांडा हांच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या शिश्टमंडळांक हे विशी म्हायती दिली.

कालच्या संक्षिप्त माहिती उपरांत काँग्रेसीचे खासदार शशी थरूर हांणी सांगलें की, भारताक 1989 वर्सा सावन शिमे पलतडीं कडल्यान कितले भयानक आतंकवादाक तोंड दिवचें पडटा हाचे विशीं भारत सगल्या भायल्या संवादकांक म्हायती दितलो.

ते म्हणाले की, शिष्टमंडळ भारता वांगडा नेमके किते घडता आणि फुडारात या दहशतवादी हल्ल्यांक कसो फुडो करप हे स्पष्ट करतलो अशे ताणी सांगले.

**PM Mann Ki Baat -**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या, 25 मेक आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींतल्यान देशवासिया कडे आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 122 वो भाग आसतलो.

**लाडाख योग महोत्सव - 60**

21 जून दिसा आंतरराष्ट्रीय योग दीस 2025 मनोवपा खातीर, लद्दाख युनियन टेरिटरी प्रशासनान, लद्दाखाचो सगळ्यांत व्हड सप्तकभर चलपी, आंतरराष्ट्रीय योग आनी ध्यान महोत्सव 15 ते 21 जून मेरेन, मनयपाचो निर्णय जाहीर केला. लद्दाखाचीं सात सुरम्य आनी निश्चल सुवातीं सयत पांगोंग तळें, शांति स्तूप, सिंधु घाट हांगा, सिंधु न्हंयचे देगेर आनी नुब्रा देगण ह्यो सुवाती योग सत्रां खातीर, वेंचून काडल्यात.

**Niraj Chopra - 70**

2025 वर्साच्या पोलंडांतल्या, चोर्झो-वांत जाल्ले जानुस कुसो-सिनस्की मेमोरियल सर्तींत भारताचो स्टार भालाफेकपटू नीरज चोपडान, रुप्या पदक मेळयलां. दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी ह्या खेळगड्यान, आपल्या सव्या आनी निमाण्या यत्नांत आव्हानात्मक परिस्थितींत 84.14 मीटर भालाफेक नोंद केली. २०२१ उपरांतचो हो ताचो सेगीत, २२वो टॉप-टू फेरीत समावेश आसा. जर्मनीचो ज्युलियन वेबर हाणें 86.12 मीटर भालाफेक करत, भांगरा पदक जिखलें जाल्यार, ग्रेनेडाचो अँडरसन पीटर्स हाणें 83.24 मीटर भालाफेक करत, तिसरो क्रमांक मेळयलो.

क्रिकेट - 30

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं लखनौच्या, एकाना क्रिकेट स्टेडियमांत सनरायझर्स हैदराबादान, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 42 धांवड्यांनी हारयले. जैता खातीर 232 धांवड्यचो फाटलाग करपी, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू 19.5 षटकांत, 189 धांवड्यो करून ऑल आउट जालो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज केरळ, दक्षिण कोंकण, कर्नाटक, मध्य महाराष्ट्र, गोंय आनी अस्तंत राजस्थान ह्या सुवातांनी, व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला आणि रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच आयएमडीन तमिळनाडू, कर्नाटक, गुजरात, राजस्थान, महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, उत्तराखंड, हिमाचल प्रदेश, बिहार आनी आसामाच्या कांय वाठारांनी, व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो, ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या. फुडल्या 2 ते 3 दिसांत केरळ, माहे आनी दर्यादेगेवेल्या कर्नाटकात घोग्यांनी पावस पडटलो, असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

मजगतीं, फुडल्या 3 ते 4 दिसांत मध्य महाराष्ट्र, गुजरात, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी तेलंगना वाठारांत लेगीत, पावस पडपाची शक्यताय आसा. दिल्लीत गडगड, जगला आनी वादळी वारें सयत, काय प्रमाणात पावसाचो अदमास आसा. फुडल्या दोन दिसांखातीर जम्मू आनी उदेंत राजस्थानाच्या एकसुरे सुवातींनी, उश्णतायेचे ल्हार पातळपाची शक्यताय आसा. तशेंच फाल्यां मेरेन वायव्य भारतात, चडांत चड तापमान 2 ते 4 अंश सेल्सियस मेरेन वाडटलें.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत, नीती आयोगाचे धावे गव्हर्निंग काउन्सिल बसकेचे, अध्यक्षपदार आसतले.

**- रिझर्व्ह बँकेच्या संचालक मंडळान 2024-25 वित्तीय वर्सा, केंद्र सरकाराक 2 लाख 68 हजार कोटी रुपया परस चड, अतिरिक्त निधी हस्तांतरित करपाक मान्यताय दिल्या.**

**- केंद्रीय रस्ते आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी काल, गोयात नव्या जुवारी पुलाचेर उबारपी, ऑब्जर्वेटरी टॉवराची बुन्याद घाली.**

**- भारतान पाकिस्तानाच्या विमानांखातीर, हवाई क्षेत्र प्रतिबंध 23 जून मेरेन वाडयला.**

**- भारताच्या नीरज चोपडान पोलंडांत, जानुस कुसो-सिन-स्की मेमोरियल भालाफेक सर्तींत, रुप्या पदक जिखले.**

**इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार**